## पणजी प्रादेशिक

## आकाशवाणी पणजी

## प्रादेशिक खबरा

मुखेळ खबरो

- गोयचे राज्यपाल पूसापती अशोक गजपती राजू हांणी गोंयच्या सगळ्या लोकांक नाताळची परबी भेटयल्या
- गोंय आनी दमनचे आर्चबिशप फिलीप नेरी cardinal फेराव हानी आपलो नाताळाचो संदेश जारी केला.
- गोंय सरकाराचें पर्यटन खात्यावतीन 28 ते 30 डिसेंबर 2025 ह्या काळात हरमल रापोणकारचो सी- फुड महोत्सव 2025 आयोजीत केला
- आदले प्रधानमंत्री सर्गेस्त अटल बिहारी वाजपेयी हांचे जल्मदिसा निमतान आयज सावन राज्यात तरेकवार कार्यावळी जातल्यो.

Dip 110

गोयचे राज्यपाल पूसापती अशोक गजपती राजू हांणी गोंयच्या सगळ्या लोकांक नाताळची परबी भेटयल्या .ताच्या संदेशांत राज्यपालानि म्हणलें की , “नाताळाचो हो सण manaytana, आमी येशू ख्रिस्तांच्या जन्माचे आद/रान स्मरण करतात ; जांच्या जलमान मानवतेक शांती, प्रेम, त्याग आणि इष्टागत यांसारखी मूल्या दिली. नाताळ हो असो सण आसा जेना इष्ट आणि कुटुंब एकठाय येतात आणि सगळी आपल्या प्रियजनांबरोबर आनंद वाटून घेतत .जेजू क्रिस्तान प्रचार केल्ल्या मोगाच्या आनी करुणेच्या संदेशाक आमी पाळून एक अशे गोंय तयार करपाक आमी एकठांय काम करया जंय शांतताय, एकचार आनी एकवट आसा आशे ताणी म्हणले. ही नाताळाची परब दर एका घरात खोस घेवन येव , आमचीं काळजां आशेन भरून सगळ्यांखातीर शांती, प्रगती आनी समृध्दीचें नवें वर्स सुरू जांव अशें राज्यपालानि मागले

Nsd /महेश 160

डिसेंबराच्या म्हयन्यातलो सूर्य अरबी दर्यात सुर्याचो अस्त जातासताना गोवा ख्रिसमस म्हल्यार नाताळाच्या येवकाराक श्रध्दा, परंपरा आनी तरेकवार खाणां-जेवणाच्या आणि शोभेच्या वस्तूंनी नटला.गोंय आनी दमनचे आर्चबिशप फिलीप नेरी कार्डिनल

फेराव हानी आपलो नाताळाचो संदेश जारी केला. हो उत्सव मानवते/वेल्या देवाच्या चिरस्थायी मोगचो उत्सव म्हण मनयता अशे म्हणला. नम/ळताय आणि बंधुभावाचयो संकल्पना अधोरेखित करून, आर्चबिशपान भाविकांक "परिवर्तनाचे माध्यम" जावन या अशांत जगात शांती हाडपाचे आवाहन केले.सध्या गोयात पारंपरिक नाताळच्या मिठाईं खातीर वापरपी 'कुसवार' या नावान वळख अशिल्या पदार्थांच्या सु/गंधान हवा भरल्या. रायबंदर हांगा चॅपलच्या आवा/रातल्या भव्य गोठ्याची परंपरा राज्यभरातल्या पर्यटकांक आकर्षित करता. ३५ वर्षांआदी सुरू जाली ही परंपरा, व्हडा प्रमाणार, मानवी आकाराच्यो मूर्ती प्रदर्शित करपी पयल्या काय परंपरां/पैकी एक आसा. खास करून बोम जेजू बॅसिलिका आनी पणजेंतल्या अवर लेडी ऑफ द इमाक्युलेट कॉन्सेप्शन ह्या प्रतिष्ठित इगरजेनि मध्यान रातच्या मिसाक व्हड गर्दी जावप अपेक्षित आसा.मोपा आणि दाबोळी विमानतळांर अतिरिक्त विमानांचे आगमन जाता आणि मडगावा विशेष गाड्यो येत आसत, गोंय उमेदीन भरील्या ह्या हंगामा खातीर सज्ज आसा.

गणेश 130

आदले प्रधानमंत्री सर्गेस्त अटलबिहारी वाजपेयी हांचे जल्मदिसा निमतान आयज सावन राज्यात तरेकवार कार्यावळी जातल्यो. फाल्या तांचो जल्मदीस सु/शासन दीस म्हूण मनयतलें. हातूत अटल स्मृती संमेलन, चित्र प्र/दर्शना, परिसंवाद हांचो आस्पाव आसा, अशें भाजपाचे प्रदेशध्यक्ष दामू नायक हांणी सांगलें.पणजे भाजप कार्यालयात पत्रकार परिशदेंत ते उलयतालें. कुजिरा हांगच्या ॲथलेटिक स्टेडियमाक अटलजींचे नाव दितले. हेर कडेन लेगीत तांचे नाव प्रकल्पांक दितले. अटलजींच्या जल्मदिसा निमतान सप्तकभर सगळ्या मतदारसंघांनी कार्यावळी जातल्यो. तांचे जीविताचेर आधारीत प्र/दर्शना, कवी संमेलना जातली. कार्यावळीं खातीर उत्तर तशेच दक्षिण गोंयांत समित्यो स्थापन जाल्या, अशी म्हायती दामू नायक हांणी दिली.तशेच 26 डिसेंबर हो दीस वीर बाल दीस म्हूण मनयतले. हे दिसा जोरा/वर सिंग आनी फतेह/सिंग हे हुतात्मे जाल्ले. हे निमतान पणजी, वास्को तशेच मडगावच्या गुरूव्दारानी कार्यावळी जातल्यो. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे वास्को गुरूव्दारान जावपी कार्यावळीत हाजेरी लायतले, अशी म्हायती भाजपाचे प्रदेशध्यक्ष दामू नायक हांणी दिली.

रश्मि सी फूड 140

गोंय सरकाराचें पर्यटन खात्यावतीन 28 ते 30 डिसेंबर 2025 ह्या काळात हरमल रापोणकारचो सी- फुड महोत्सव 2025 आयोजीत केला.गोंयच्या गिरेस्त दर्यांतल्या खाणांचे दायज, पारंपारीक खाणां-जेवण आनी सांस्कृतीक अभिव्यक्ती ह्या महोत्सवावरवी मनयतले. उक्तावण सुवाळो २८ डिसेंबर ाक सांजवेळा ५.३० वरांचेर, जातलो. ह्या वेळार मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत , पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे,साळगांवचे आमदार आनी जीटीडीसीचे अध्यक्ष केदार नायक; मांद्र ेचे आमदार जित आरोलकार, आणि हेर मानेस्त हाजिर aastale . नुस्तेंमारी करपी गोंयकार पिळग ी गोंयच्या पारंपारीक जिणे पद्दतीचो एक अभिन्न भाग जावन आसा आनी राज्याची अन्न संस्कृताय आनी दर्यादेगेवेल्या समाजाक आकार दिवपाचें काम ह्या महोत्सवावरवी आमी करता .ही जिवी परंपरा वळखुपाक, नुस्तेमारी समाजाची कुशळटाय मनोवपाक आनी उत्सवी आनी समाजप्रधान परिस्थितींत अस्सल गोंयच्या दर्यांतल्या खाणांचो, खाणां-जेवण दाखोवपाक रापोणकारचो सी - फुड महोत्सव म्हत्वाचो थारतलो अशे पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला

क्रिसमस सुशांत 125

नातालाच्या फाटभुंयेर दक्षिण गोंयांत पर्यटकांची गर्दी वाढल्या. हे फाटभुंयेर येरादारी पुलीसांनी येरादारी नेम मोडपी वाहन चालकांचेर बारीक नदर दवरल्या. चार दिसां आदीं सावन पुलिसांनी कारवाय सुरू केल्या आनी येरादारी नेम मोडपी लोकां आड खर कारवाय सुरू केल्या. ही माहिती दक्षिण गोय येरादारी पोलिस विभागाचे उप अधीक्षक राजेंद्र प्रभुदेसाय हाणी दिली.

20 डिसेंबर सावन आतां मेरेन पुलिसांनी कलम 183 खाला चड गतीन गाडी चलोवपी दोनशे panchattar वाहन चालकां आड कारवाय केल्या, जाल्यार कलम 195 (घ) खाला 515 दुचाकी वाहन चालक हेल्मेट नासतना धरल्यात. कलम 185 खाला

सोऱ्याच्या नशेन गाडी चलोवपी छत्तीस  जाणांचेर कारवाय केली आनी कलम 122 खाला पार्किंगाचे उल्लंघन करपी एकशे byayshi  जाणांचेर कारवाय केल्या.
आमी येरादारी नेम पाळपाचो आनी अपघात आडावपाचो यत्न करतात आनी पर्यटक तशेंच थळाव्या नागरिकांनी येरादारी नेम पाळचे अशें येरादारी पुलीस उप अधीक्षक राजेंद्र प्रभुदेसाय हांणी maagla .

यादव ७०
काय राजकीय पक्ष, विशेषतः काँग्रेस, सर्वोच्च न्यायालयाच्या अरवली टेकड्यां/वेल्या निकालाबाबत चुकीची माहिती पसरयता अशे केंद्रीय पर्यावरण, रान आणि हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव यांनी म्हणाला.ते सर्वोच्च न्यायालयाच्या निकालाचो जाणूनबुजून चुकीचो अर्थ लायता आणि स्वतःचे हितसंबंध पूराय करपाक ताचो राजकीय साधन म्हणून वापर करतात. आकाशवाणी न्यूजक दिल्या विशेष मुलाखतीत, यादव हाणी म्हणाले की, विरोधकांकड च्यान पसरपी  प्रचाराक नागरिक बळी पडचे ना. (सर्वोच्च न्यायालयाचो निकाल अरावली प्रदेशात बेकायदेशीर खाणकामार बंदी घालपाक आसा असे मंत्र्यांनी स्पष्ट केले. Byte

DIP aqua 150
एक्वा गोवा मेगा फिश फेस्टिवल, २०२५-२६’ ची धावी आवृत्ती पणजेच्या ‘ओपन फिल्ड ग्राउंड, s a g  कंपाल हांगा ९ ते ११ जानेवारी २०२६ मेरेन आयोजित केला. गोंय राज्यांतल्या विद्यार्थ्यांक आनी सामान्य लोकांक एक गिरेस्त शिक्षणीक अणभव दिवपा खातीर हो महोत्सव तयार केला. तातूंत शोभिवंत प्रजातींचे प्रदर्शन करपी मत्स्यालय गॅलरी शिक्षणा खातीर जिव्या नुस्त्याचें तळें आनी भुरग्यांखातीर आनी जाणत्या खातीर तरेकवार सर्ती अशीं वेगवेगळीं आकर्शणां आसात. तरणाटे, नुस्तेकार मत्स्यपालक आनी उद्देजक मनरिजवणेच्या आकर्शक मनरीजवण करपी कार्यावळींचो आनंद घेवंक शकतात आनी नुस्तेमारी क्षेत्रांतल्या नामनेच्या संस्था आनी उद्देगांतल्या तज्ञांनी आयोजीत केल्ल्या कार्यशाळा आनी सत्रांनी वांटो घेवंक

शकतात. आनीक जायते रोमांचक कार्यावळी नियोजीत आशिल्ल्यान हो महोत्सव शिक्षण, सृजनशीलता आनी समाजीक उत्सवाचो एक गतीशील मिश्रण थारतलो.

नुस्तेमारी वेवसायिकांक सरकारी येवजण्यों आनी नुस्तेंमारी वेवसायांतल्या आधुनिक तंत्रज्ञानाची म्हायती करून दिवप तशेंच युवकांक ह्या वेवसायाकडेन आकर्शीत करप हो अक्वा गोवा मेगा फिश महोत्सवाचो उद्देश आसा. गोंय राज्य नुस्तेंमारी संस्कृती आनी वेवसायाखातीर फामाद आसून लोकांनी महोत्सवाक भेट दिवन महोत्सव यशस्वी करपाक सहकार्य करचे, अशें नुस्तेमारी संचालनालयान मागला.

नशा मुक्त 130

समाजीक न्याय आनी सक्षमीकरण मंत्रालयान नवी दिल्लींतल्या 'नशा मुक्त भारत अभियान' खाला पतंजली विद्यापीठ आनी शिवानंद योग वेदांत आश्रम हांचे कडेन समजी कायेच्या कबलातीचर सय केली. केंद्रीय समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्री डॉ. वीरेंद्र कुमार यांनी सांगले की, आता मरेन १५ कोटीं परस चड तरनाटे आणि ६ कोटीं परस चड बायला या व्यसनमुक्ती मोहिमेत सहभागी झाल्यात. हो उपक्रम 15 लाखां परस चड शिक्षणीक संस्थांनी पावला आनी सुमार वीस हजार स्वयंसेवकांक तळागाळांतल्या पांवड्यार काम करपाक प्रशिक्षण दिलां अशें तांणी सांगलें. पंजाब, हरियाणा सारक्या शिमेवयल्या राज्यांनी ड्रग्साच्या प्रस्नाचेर मात करपा खातीर गृह मंत्रालयाच्या समन्वयान खाशेले उपाय सुरू आसात असो उल्लेख डॉ.कुमार हानी केलो. देशांतल्या ड्रग्साची पुरवण साखळी मोडपाच्या हेतान अधिकारी ड्रग्स तस्कर करप्यां आड कारवाय चड खर करतात, ड्रग्स जप्त करून नश्ट करतात आनी तातूंत आस्पाव आशिल्ल्यां आड खर कायदेशीर कारवाय करतात अशें तांणी फुडें सांगलें.

स्पोर्ट्स 110

गोंय विद्यापीठ, जीव्हीएम, फार्मागुडी आनी ज्ञानप्रसारक मंडळ म्हाविद्यालयान आयोजीत kellya आंतर महाविद्यालयीन एथलेटिक्स सर्तींत दादले आनी बायलांच्या विभागांत nyanprsarak मंडळ म्हाविद्यालयान विजेतेपद मेळयले . सर्तीचें उक्तावण खेळां संचालक डॉ अजय गावडे ह्यांचे हसतुकी जाले. इनामां वांटप अर्जुन पुरस्कार विजेते ब्रह्मानंद शंखवालकर आनी खेळां उपसंचालक डॉ विवेक पवार ह्यांचे हसतुकी जाले . बांबोलीच्या s.a.g एथलेटिक स्टेडियमांचेर तिन्ह दिस ह्या सरतीचे आयोजन जाले. शेचाळिस म्हाविद्यालयांतल्या सुमार 900 खेळगड्यांनी ह्या सरतींत वांटो घेतिल्लो. ह्या सर्तींत उत्कृश्ट दादलो आनी बायल खेळगडे म्हूण दामोदर

महाविद्यालयाचो विशाल दास आनी ज्ञानप्रसारक मंडळाचे रानी देग/वेकर ह्यांची निवड जाली . दादल्यांच्या विभागांत ज्ञानप्रसारक म्हाविद्याल, असगांव हाणी दुसरें आनी केपे सरकारी म्हाविद्यालयान तिसरें स्थान पटकायले . बायलांच्या विभागांत रोझरी महाविध्ययलयक उपविजेतो आनी खंडोला सरकारी म्हाविद्यालयाक तिसरो क्रमांक फाव जालो

वेदर 45

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान बत्तीस पूज्य दोन डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान अठरा पूज्य एक डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला..राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलकेते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेळ खबरो

- गोयचे राज्यपाल पूसापती अशोक गजपती राजू हांणी गोंयच्या सगळ्या लोकांक नाताळची परबी भेटयल्या
- गोंय आनी दमनचे आर्चबिशप फिलीप नेरी cardinal फेराव हानी आपलो नाताळाचो संदेश जारी केला.
- गोंय सरकाराचें पर्यटन खात्यावतीन 28 ते 30 डिसेंबर 2025 हया काळात हरमल रापोणकारचो सी- फुड महोत्सव 2025 आयोजीत केला
- आदले प्रधानमंत्री सर्गेस्त अटलबिहारी वाजपेयी हांचे जल्मदिसा निमतान आयज सावन राज्यात तरेकवार कार्यावळी जातल्यो.